*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**अपंगुळ श्रेणींतल्या राज्य पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 8 नोव्हेंबर 2019

समाज कल्याण संचालनालयान अपंगुळ श्रेणींत उत्कृश्ठ मालक (एक), उत्कृश्ठ बिगर सरकारी संस्था (एक) आनी उत्कृश्ठ कर्मचारी (तीन) राज्य पुरस्कार भेटोवपा खातीर अपंगुळ मालक, बिगर सरकारी संस्थां आनी अपंगुळ कर्मचाऱ्यां कडल्यान विहित नमुन्यातल्यान अर्ज मागयल्यात.

उत्कृश्ठ अपंगुळ कर्मचारी श्रेणीत दोळ्यांनी न दिसप, उलोवपाक न येवप आनी आयकुपाक न येवप अशा वर्गात प्रत्येकी एक पुरस्कार दितले. रोख 25,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी शाल अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

विहित नमुन्यातले अर्ज समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी आनी जिल्हा समाज कल्याण कार्यालय, माथानी साल्डाना प्रशासकीय प्रकल्प, मडगांव हांगा फुकट उपलब्ध आसात. पुराय भरिल्ले अर्ज राजपत्रीत अधिकारी/ स्वता प्रमाणीत केल्ल्या आवश्यक दाखल्यांच्या प्रती सयत ता. 22 नोव्हेंबर 2019 मेरेन समाज कल्याण संचालनालयांत पावपाक जाय.

हे राज्य पुरस्कार ता. 19 डिसेंबर 2019 दिसा गोंय मुक्ती दिसाच्या प्रसंगार भेटयतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/782

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.

THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,

NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA